राष्ट्रीय सर्वेक्षण दीस मनयलो

ता. ९ एप्रिल 2022

मालमत्ता आनी भुंय नोंदणी खात्यान आयज पणजे मिनेझीस ब्रागांझा सभाघरांत आयोजीत कार्यक्रमात राष्ट्रीय सर्वेक्षण दीस मनयलो.

पणजेचे म्हापौर रोहित मोन्सेरात कार्यक्रमाक मुखेल सोयरे आशिल्ले जाल्यार महसूल सचीव रमेश वर्मा मानाचे सोयरे आशिल्ले.

कार्यक्रमाक उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी मामू हगे, महसूल खात्याचे जोड सचीव श्री. परेश फळदेसाय, मालमत्ता आनी भुंय नोंदणी खात्याचे संचालक श्री. जॉन्सन फर्नांडिस, उपसंचालक श्री. मंदार नाईक, अधिक्षक श्रीमती माया आमोणकर आमी हेर अधिकारी उपस्थित आशिल्ले.

कार्यक्रमात उलयताना श्री. रमेश वर्मा हांणी भुंय नोंद आनी आराखड्यांची नोंदणी करपी गोंय हे पयले राज्य आसून ही उपलब्धी आमच्या सगळ्यांखातीर म्हत्वाची आसा. खात्याच्या कर्मचाऱ्यांनी भुंय आनी मालमत्तेची नोंदणी वेवस्थित दवरपाखातीर समर्पितपणान काम करपाचो सल्लोय तांणी दिलो.

ह्या वेळार मानेस्तांच्या हस्तुकीं खात्यान आयोजीत केल्ल्या विंगड विंगड सर्तीच्या जैतवंतांक इनामां भेटयली.

सुरवातीक संचालक श्री. जॉन्सन फर्नांडिस हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. श्रीमती शलाका देसाय हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले. श्रीमती माया आमोणकर हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/241

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji